# सड्यावेलीं फुलां

— बयाभाव

14655

कोंकणी भाशा मण्डळ

मडगांव–गोंय

1.4691
A|Saa

# सडचावेलीं फुलां

1146

*

रचपी :

**ब या भा व**

आनी संशोधन केंद्र
फोन: २७५०५५
मडगांव-गोंय-४०३ ६०१

*

891.4691
Bai/Sad

कोंकणी भाशा मंडळ

मडगांव-गोंय

# मांडावळ

पान


१) वावळी ३
२) वळख ५


## – सडचावेलीं फुलां –


१) नमन–गीत ११
२) बया आकाक– १३
३) गोमन्त–गीत १५
४) मागणें १८
५) निर्धार १९
६) संव्हार २१
७) अथ्रेकणी २३
८) 'नवें गोंय–नवे गोंयकार !' २५
९) सार्थक २७
१०) जागर २९
११) शिल्पीक कामतींक ३०
१२) मांडो ३१
१३) थंडाय ३३
१४) सडचावेलें फूल ३५
१५) नाका नांव !– ३९

# वावळी !

सांगून–सवरून 'सडचावेलीं फुलां.' तांकां रंग खैंचो आसतलो आनी वास कसलो येतलो? जाल्यारूय, कांय जाणांक तीं मानलीं आनी तांचे खातीर, मेकळीं दिवंक बरें दिसना देखून, ही माळ गुंथची पडली.

पंदरा फुलांचे माळीक 'दोन अुतरां'ची वावळी पुरो आसली. प्रस्तावनेच्या दोराची तिका गरज नासली. पणून जेन्ना तांची माळ करची थारायली तेन्ना तांचेर पर्थून नदर पडली. त्या वेळार, मनांत थोडो दुबाव आयलो. अेके भैरे आनी मोने बाळंतिणीन खैं, आपणाक जाल्लें भुरगें चार–चोवगांत हाडचे आदीं, तें कानां–तोंडान धड आसा कि आपलेवरीच जल्मलां, हें पळोवंक अेक उपाय केल्लो; पणून, हीं भुरगीं वेगळे तरेचीं जाल्ल्यान, तिणें केल्ल्या अुपायान आमच्या मनांतलो दुबाव वच–सारको नासलो. देखून, तीं कोणाय विद्वानाक दाखोवचीं आनी मागीर चार–चोवगांत मांडचीं अशें येवजून, फाटलो–फुडलो विचार करिनासतना, 'मोगाच्या लग्ना'चे विद्वान 'व्होवळीक' कार **आचार्य रामचंद्र शंकर नायक** हांचे कडेन आमी प्रस्तावनेची मागणी घाली. पणून ते आमचेवरी कोंकणिचो संवसार विसरूंक नासले! तांणी कळैलें कि, 'हें 'मोचेमाडकारांलें नाटक' जातलें! तीन सवंग्यांक तीस सवंगां! तुमी अशें जावंक दिवंक फावना. तुमी अेकाद्रें नवें नांव अुजवाडा हाडल्यार बरें न्हय?' कितली सोबीत, सुंदर आनी वेव्हारी सुचोवणी ही! आमी रोकडेंच पत्र घालून **आचार्य नायकांचे** अुपकार मानले आनी नव्या नांवाचे येवजणुकेक लागल्यों. त्यावेळार, आमचे नदरेक, मुंबै धरून मंगळूरमेरेनचें कोंकण, मोठ्या अभिमानान, हावेसान आनी पोटतिडकेन कोंकणी भाशेचे सेवेंत गुल्ल जाल्लें दिसलें! तांतूंतल्या कितलेशाच विद्वानांचीं मनां, मेंदू आनी हात कोंकणी भाशेच्या तरेकतरा वावराक लागल्यात! कोण कोश घट्टात, कोण काणयों आनी निबंद बरैतात, कोण कवनां रचतात, कोण हाताळीं आनी छापी नेमाळीं चलैतात, कोण वर्तमानपत्रां काडपाचो विचार करतात. अितलें कित्याक?– जांणी

आपणालो सगळो जल्म कोंकणीक विरोद करपांत फुकट घालैलो तेय आज हेच भाशेंत अुलोवपां करतात आनी आमगेल्या घरांतलीं ल्हान भुरगीं कोंकणी भाशेंतूच बरैतल्यों असो हट घेतात ! कितली तोखणायेची आनी अभिमानाची गजाल ही ! फुडें अशें घट्टलें अशें पांच–पंचवीस वर्सां आदीं कोणेंय सांगिल्लें जाल्यार, ताका लोक पिसो म्हणटले आसले–न्हय म्हणटाले! पणून आज ? आज सगळें कोंकण आपणाले कुळवंत आनी भौच शिरवंत आवै–भाशेच्या मोगांत अुफेता आनी अभिमानान पेंवता! **आचार्य नायक** हें नकळत ? तांकां हाची खबर ना? मागीर तांणी आमकां अशें कित्याक बरोवचें ? तांणी **'आनीक अेका'** नांवाची अुमळशीक कित्याक दाखोवची ? अेकाद्रो तांकां, तांचे आनी आमचे भायर आशिल्लो संवसार दिसता आसुंये. पणून त्या संवसाराक **'अेकूच'** नांव कित्याक? **शेकानशेक पातळल्लें कोंकण, कोंकणी भाशेच्या नांवान खिणांत अुबें करून दाखोवं येत** ! हें ते बेस बरें जाणात. अशें आसतना तांणी आमकां, **वैर** दिल्ली सुचोवणी केली. तिचो हेत कितेंय आसूं. आमी तिचो लाव वेगळेच तरेन घेवचो येवजिलो आनी थारायलें कि, **जाका** हीं गितां रचतल्याची **वळख ना** आनी **जाका** हीं गितां रचतलो **वळखना** असल्याच विद्वानाकडेन प्रस्तावनेची मागणी घालची ! हे थारावणेचें फळ म्हळचार ह्या पुस्तकाक जोडिल्ली 'प्रस्तावना.' होच माथाळो प्रस्तावनाकारांनी आपणाल्या बरपाक घाल्लो. तो बदलून आमी **'वळख!'** असो केलो. तो ह्याच अर्थान. कोंकणिचे भौच अुंच पांवड्याचे विद्वान कळाकार **भौमानेस्त शांतारामबाब कामत** हांकां तो मान्य जातलो अशी आस्त आसा.

गोमन्तक छापखानो, मुंबै
दसरो, १८६८; ता. ५–१०–४६. } अुजवाडावपी.



# वळख !

ह्या ल्हानशा गितांच्या पुस्तकाक ल्हानशी प्रस्तावना बरौन दिवची अशी मुंबैच्या 'गोमन्तक' छापखान्याच्या धनयांकडसून मागणी आयल्ली पळोवन म्हाका अजापांचो धपको बसलो. गोंयांत आनी मुंबैत नांवास्तीक साभित्यीक आसतना ह्या कारवारसारक्या खाची–कोणशांतल्या, वळख–देख नाशिल्ल्या म्हजेसारक्या मनशाक प्रस्तावना बरोवचो मान मेळचो, हें नवल न्हय? पूण तांणी तरी बाबड्यांनी कितें करचें? कोंकणी आवैले शिरवंत पुत तिजेवशीन फाट करून, तिका आपूण वळखनात म्हण सांगपात अभिमान (?) धरतात जाल्यार, आमचेसारक्या गरिबांनीच तिका पळोवंक जाय. नाजाल्यार, तिची दशा जावची कशी ? आनी तिगेल्या नेणट्या भुरग्यांनी खैं वचचें ?

कोंकणी आवैची आमी जी सेवा करची ती फकत तिच्या माये-मोगानूच न्हय. तांतूंत आमगेलो फायदोय बी आसा. कारण थोडे कोंकणे आपणांली आवै–भूंय आनी आवै–भास विसल्ले जाल्यारूय शेकानशेक पातळल्ल्या ह्या कोंकणदेसांतल्या अगणीत कोंकणी लोकांच्यान तशें करूं नज. तांणी आपणाल्या आवै–भुयेंतूच अुरका आनी आवै–भाशेंतूच आपणांलो जाता तितलो अुद्धार करून घेवका. दुसरो अुपाय ना.

भास हें साध्य नासतना तें (गिन्यान मेळोवचें) सादन जाल्यार, साध्य बेगीन हातांत पडचेखातीर सादन जितलें ससार जायत तितलें बरें, हें आपशींच सिद्द जाता. म्हळचार, सादनाखातीर वेळ आनी कश्ट करपाची तांक जितली चड खर्चंत तितली ती साध्य मेळोवचे कामांत अुणी पट्टा. देखून आज आवै–भाशेंतल्यानूच शिकप करपाची चाल सगळे कडेन पडल्या.

कोंकणी भास मराठी अितली गिरेस्त ना. ते भाशेंत अुतरां थोडीं, आतांच्या सुधारिल्ल्या काळांतल्यो नव्यो येवजण्यो ते भाशेंत सारक्यो बऱ्यो मांडच्याक येनात, अशें कांय जाण म्हणटात. हाचें अर्दें कारण परक्या

भासांचे संगतीन ते आपणांली मुदलची भास विसर्न गेल्ले अुरतात, हें भासा. ते अडेचे भाशेंत विचार करतात आनी धर्मांतर केल्ल्या लोकांवरी नवे घेतिल्ले भाशेचो अभिमान धरतात. देखून, तांकां आपणाल्याच गांवांतल्या आनी घरांतल्या बायलां-भुरग्यांच्या लेगीत तोंडांत आशिल्लीं सादीं अुतरां कळनात वा येवजनात आनी हाचो दोश ते कोंकणी भाशेच्या माथ्यार थापतात. हे लोक बाटिल्ल्या लोकांवरी कोंकणी लोकांतल्यान फुटून गेल्यात म्हणच्याक हरकत ना. त्या भायर, जशे लोक तशी भास. ज्या लोकांत शेंकडयाक ९० जाण निरक्षरी आनी अजाण; जांकां शेत-भात करप, लांकडां हाडप, फोव कांडप आनी चडांत चड म्हळचार पागप, हांचेभायर धंदो ना; आनी टपालान पत्र आयल्यार तें वाचून अर्थ सांगतल्याचो सोद करचो लागता आनी पत्र बरोवचें जाल्यार शाय-लिखणी धर्न तयारी करची पडता, तांचेभितर गितां-खेळांची वा राजकर्णी विशयांची भास निर्माण कशी जायत ? असल्या लोकांचो अुद्धार करचो आसल्यार तांकां परकी भास दिवन अुपकारना. तांकां तांगेलीच भास सारकी-बरी करून दियात आनी ते तांगेल्या धंद्यांनीं पडिल्ले आसले जाल्यारूय तांची कुचमण जाता जाल्यार पळेयात ! भाशेचे अडचणीन खंच्याच देसाचो प्रगती थांबली ना. पणून म्हणणी आसा : 'दांत्यार बसल्याबगर व्होवयो येवजनात !'

कोंकणी आवैल्या ज्या पुताक आपणाल्या खाशेले गरजे भायर कितेंय दिसत आनी आपणाल्या अगणीत गरीब आनी अजाण भावांची थोडीय धंग अुरत तो आपणाक कोंकणींत अुलोवच्याक आनी बरोवच्याक येना, ते भाशेंत जाय तितलीं अुतरां नात, अशें केन्नाच म्हणचो ना. कित्याक, अिंग्लीश, पोर्तुगीज, कानडी वा मराठी शिकच्याक जितले कश्ट पट्टात ताज्या हजाराच्या वांटयानूय कोंकणींत अुलौच्याक, बरौच्याक आनी वाच-च्याक पडनात. हे थोडेभोव कश्ट घेवन आमगेले विद्वान भाव आपणाल्या गरीब भावांखातीर कितेंय करतीत जाल्यार, आमगेले कोंकणी भाशेचो अुद्धार जावच्याक कितलो-सो वेळ लागत? निश्चयाचो सुर्या अुदेलो म्हणटरी अुतरांचे अडचणिंची येवजणेंतलीं भुतां पळून वेतलीं !



पन्नास वर्सांफाटीं मराठी लोक अशींच गाराणीं घालताले. पंचवीस वर्सांआदीं कानडी लोक अशेच पिर्गपाले. देखून, आज कोंकणी लोक मनार घेतीत जाल्यार आनीक पन्नास वर्सांनी वा ताचेकूय आदीं आमगेले भाशेंत अुतरां नात, गितां नात, पुस्तकां नात, अशें म्हण्ण तिका दुशण लायतल्यांचीं तोंडां बंद जातीत.

हाची बऱ्यांतली बरी देख म्हळचार ह्या पुस्तकांतलीं गितां. हीं वाचिल्ल्या मनशाक वेंले म्हणणेचें खरेपण कळच्याक वेळ लागचो ना. हीं गितां चिल्लर न्हयत; तीं देशाच्या आनी भाशेच्या मोगाच्या तळमळचान आनी कळवळचान निर्माण केल्लीं अुंच पांवडयाचीं कोंकणी गितां आसात. अेका अर्थान हीं सामान्य कोंकणी मनशांखातीर केल्लीं न्हयत, अशें म्हण-च्याक हरकत ना. म्हळचार, तीं तांकां आजचे दशेंत समज-सारकीं नात. पूण तीं वाचून, कोंकणी भास दुबळी, अुंच विचार आनी भावना अुकती करून दाखोवपाक नपुणी, तें भाशेंत बरीं गितां घडोवंक कठीन, अशें कोणूच म्हण-सारको ना. कित्याक, तांतूतलें विचार अितलें अुंच आनी भावना अितल्यो तीख आसूनूय त्यो अितल्या नकसूद अुतरांनी अुकत्यो जाल्यात कि, केशवसुतांल्या, गडकऱ्यांल्या वा तांब्यांल्या मराठी कवितांच्या-कूय हीं गितां साबार अुणें योग्यतायेचीं आसात, अशें म्हाका दिसना. अशें आसूनूय तीं निजाच्या सुरबूस कोंकणी अुतरांनी घडल्यांत. तांतूंत संस्कृत भाशेंतलीं लेगीत अुतरां थोडीं. कोंकणी भास ही मराठी भाशेचो अेक 'बोली,' तिका स्वतंत्र जीण ना, अशें म्हणटल्यांचीं तोंडां आतां तरी बंद पडूंत.

ह्या गितांचे बरें-वायट गुण दाखोवचो जागो हो न्हय. कारण, तोखणाय केली जाल्यार, कविच्या पक्षपातान केली अशें लोक म्हणटले आनी दोश काडप शिश्टाचाराच्या आड आसा. म्हण्ण हांव त्या वावरांत पण्णा. हांव अितलेंच सांगतां कि, हीं गितां रचतल्याची आनी म्हजी वळख ना. जेन्ना हीं गितां म्हजेकडेन आयलीं आनी हांवे तीं वाचलीं तेन्ना म्हाका अेका नव्याच तरेच्या सुंदर फुलांच्या पोरसांत पाविल्ल्यावरी दिसलें. सुदा-

म्याक आपणाल्या कोलवा-खोपटाच्या जाग्यार सुंदर राज-म्हाल पळोवन म्याक आपणाल्या कोलवा-खोपटाच्या जाग्यार सुंदर राज-म्हाल पळोवन म्हाका जालें. जितलें अजाप जालें तितलेंच कोंकणिचो हो नवो भेस पळोवन म्हाका जालें. म्हाका मराठी गितां वाचचो थोडो-भोव नाद आसा. तीं म्हाका मानतात. पूण तांचेवैल्यान आज ह्या गितांचेर नदर घालतकूच मराठी खानावळींतली 'आंबटी' भुरकावन आनी 'पोळी' चाबडावन बेजारिल्ल्या, मुंबैपुण्यांतल्या 'कॉलेजां'नी शिकतल्या आमगेल्या चल्यांक कारवारच्या आपणाल्या घरा आयल्याबराबर आवैल्या हातचें हुमण आनी हिट-रोम खावन खोस जाता, ती म्हाका जाली. हांतूंतलीं कांय गितां हावें '**नवें गोंय**' ह्या ति-म्हैनाळयांत फाटीं वाचिल्लीं. बाकिचीं नवीं. सगळीं आतां परत वाचलीं; पर्थून वाचलीं; आर्थून-पर्थून वाचलीं. दर अेके खेपेक तांची गोडसाण चडतूच गेली. तांतूंतलीं कांय कडवीं जाल्यार तोंडपाट जालीं आनी हांव तीं गुणगुणच्याक लागलों. खऱ्या गितांचें तें अेक लक्षण आसा. तीं वाचीत तितलीं तांची रूच चडूंक जाय. तीं पेज़ेनिसावरी घुटूघुटू पिवंची न्हंयत, दुदपेंड्यावरी घोळोवन-घोळोवन चोखचीं. हें वर्णन ह्या गितांक सारकें बरें लागता. जो रसीक हीं गितां अेक फावट वाचीत तो तीं केन्नाच विसरचो ना. अितलीं तीं रसाळ आसात.

हीं गितां थोडींच आसात. तांचे विशय तांच्याकीय थोडे. तांतूंतलीं चडशीं कोंकणी भास आनी कोंकण देस-तांतूंय गोंय-हांच्या संबंदाचीं आसात. थोडीं गुडान भरिल्लीं वा अन्योक्तीपर म्हळचार, धुवेक अुलोवचें आनी सुनेक लागचें हे रितिचीं दिसतात. देखीक, '**निर्धार**,' '**मागणें**,' '**सार्थक**' आनी अखेरचीं तीन. दर अेकांत कविचो कोंकण देसावैलो अभिमान आनी कोंकणी भाशेवैलो मोग भर्न व्हांवता. आपणाल्या आवै-भुंयेची आनी आवै-भाशेची धंग नाशिल्ल्या आपणाल्या लोकांचें आत्महीणपण तांचेखातीर, आपणालें तनमनधन खर्च करचो '**निर्धार**,' ह्या कामांत आदीं घोळिल्ल्या '**शणै गोंयबाबां**' सारक्या मुखेल्यांसंबंदान कृतज्ञताय आनी तांगेलें काम फुडें चलोवची आनी चलोवपाक लावची बळीश्ट अित्सा अुकतेपणान दिसता. '**मांडो**' आनी '**अय्रेब्णो**' हीं दोन मोगा-गितां आसात. हांतूंतलें दुसरें जाल्यार अितलें गोड आसा कि मराठी कविच्या खैंच्याय बऱ्यांतल्या बऱ्या



भावना-गिताक तें हार खावचें ना. '**बया आकाक**-' आनी '**शिल्पीक कामतींक**-' हीं दोन समाजीक गितां कविल्या मोगाळ मनाची वळख दितात. '**संव्हार**' ह्या वीर-रोसाच्या गितांत आपलेपणाचो अभिमान नाशिल्ल्या कोंकण्यांक. ऱ्या 'जिवंत मड्यां' क घिस्पटायल्यात. '**थंडाय**' आनी '**सड्यावेलें फूल**' ह्या कळवळयांच्या गितांतलें पैलें '**शणै गोंयबाबाक**' आनी दुसरें '**नवें-गोंय**' ति-म्हैनाळयाक लागू करच्याक हरकत ना.

ह्या सगळ्या गितांतली भास गोंयची कोंकणी आसून ती अितली नकसूद, आडखळा-मेकळी आनी ताळा-सुराची आसा कि, ह्या तरेचीं अितल्या नेटाचीं आनी अुंच पांवड्याचीं गितां शुद्द कोंकणी भाशेंत करच्याक जातात हें पळोवन खैंच्याय कोंकणी भक्ताक धन्यताय दिसतली. दुसऱ्या कसल्याकय न्हय जालें जाल्यारूय, ह्या निजाच्या सुंदर कोंकणी भाशेखातीर तरी हीं गितां दरअेका कोंकण्यान वाचयेत अशें म्हाका दिसता. मराठी भाशेचो पांवडो वाडोवच्याक चिपळूणकार बापूय-पुतान जो वावर केलो तोच '**शणै गोंयबाब**' आनी '**बयाभाव**' हांणी कोंकणी गद्यपद्याखातीर केलो अशें म्हणच्याक हरकत ना.

**कोंकणीक जीवदान**
**दिवपाक पंचप्राण**
**हे अुडैन अुंबाळून**
**आनी फुलैन फुलार । मळो तापल्ल्या सड्यार !**

ही वडा तांणी निखालस खरी कर्न दाखैली आनी हे तांगेलें करणेखातीर तांगेली आवै-भास खोसयेन आनी अभिमानान ह्या मोगाच्या पुताक 'आपलो' म्हण्ण तोखणायेन ताचे 'फाटीर हात' भोंवडायतली हांतूंत दुबाव ना.

निमाणें ह्या गितांच्या बरप्याकडेन म्हगेली मागणी आसा कि, तांणी आपणाल्या ह्या अुंच तरेच्या कवीत्व गुणाचो अुपयोग आपणाल्या निरक्षरी

भावांखातीर चडांत चड करचो. ह्या गितांची भास निवळ कोंकणी आसली जाल्यारूय विशय सामान्य मनशाल्या ओडिचे नात. देखून, कोंकणांतल्या सामान्य लोकांल्या सदांच्या वेव्हारांतल्या वेगळचा-वेगळचा प्रसंगांची वर्णना ते आपणाल्या अर्थवंत ताळचान करतीत जाल्यार तांगेलीं पदां ह्या गितांवरी शिकिल्ल्यांकूच (ताणी वाचल्यार!) मान-सारकीं जायनासतना सगळचांच्या (निरक्षरी बायलांभुरग्यांच्यालेगीत) तोंडात बसतलीं. कशेंय जालें तरी कोंकणिचे मोगी तांचेकडेन मागतले—

'ही पालोवं नाका जोत!'

| | | |
|---|---|---|
| कारवार,<br>आश्वीन शुद्द पाडवो, शक १८६८.<br>ता. २६ जून १९४६ | } | शां. वि. कामत |



# सडचावेलीं फुलां

*

## नमन-गीत

कोंकण आमचो देस
आवै कोंकणी भास
आमी सगळीं भुरगीं तीचीं, भावां-भैणां खास.

हिंदू-किरिस्तांव
आमी भाव-भाव
अेका देवाकडेन वेतात, मार्ग दोन जावं.

जावं हांव बामण
खेत्री, सुदीर कोण
अेक आमी सगळे कोंकणे, झुजूं ना कारण.

वारो हो शितळ
अुदकूय निर्मळ
अेकचाराच्या गीतान केली भूंय ही पिकाळ.

चंद्र-सूर्य हांसता
समुद्र हो गाजता
अेकचाराच्या अेका रंगान सह्याद्रि हो सोबता.

पांचव्या-पांचव्या चार
झाडां-झाडांचेर
अेकचाराचें गीत गातात सवणीं दिसूयभर.

गांव तेंच गीत
घालूं हातांत हात
काडूं देस-भास वैर, दुसरो ना हावेस.



## बया आकाक–

आयकून कथा-पूराण
धादोस उदासी मन
पणून खर्शेले प्राण–
पळोवन रितो संवसार.

देवळांत म्हुर्त रामाची
चोवखार कथा सीतेची
भोंवतणी माळ भूतांची–
पळोवन जीव बेजार.

हो संवसाराचो खेळ
ना कित्याक कसलो मेळ
होमांत हुलपता केळ–
वैल्यान तुपाची धार.

दाखोवन अडेचे भाव
त्या देवगुणांचो लाव[1]
घेवचेली संवसारा हावं[2]–
करून आतम-गोबर.

ही परमार्थाची पत[3]
पळोवन जीव खंतींत
वेंगून दिव्याची जोत–
    करपली जिणेची वाल.

हें सार जिणेचें–वीख
फाटल्यान फुडें काळोख
ओपून ग्रंथ अग्नीक–
    धुंवरान भरलें घर.

ते जळ्ळे ग्रंथ रांदनींत
तेजान म्हुर्त अितल्यांत
तळपली तुजी घरांत–
    वाऱ्यान अुबोवन धूंवर.

तूं पवित्रतेची म्हुर्त
तूं धर्म-गितांची किर्त
त्यागाक तुज्या ना सर्त–
  धन्य ! धन्य ! धाकलो भाव.

❁

1 लाव = लाभ, फायदो. 2 हावं = हावेस, वसवस.
3 पत = भांडवल. परमार्थाची पत = पुण्यताय.



# गोमन्त-गीत

१

सोबीत सुंदर नंदनवन हें, गोमन्तक हाजें नांव
संवसाराची पुण्यभूंय ही, जयजयकार हाजो जावं

हेवटेन दोंगर, तेवटेन दोंगर, पांचवे पांचवे चार
पांचवीं रानां, पांचवीं पानां, पांचव्या बसकारार

अूंच अूंच दोंगरांनि तेंकैलीं मळबाक आपलीं माथीं
चर सकैले भयांकृत अशे पळोवंक जायना छाती

ल्हान-व्हड झाडांची ही गर्दी, माड-माडयांचें रान
पळोवन हाका कल्प-रुखाच्या गर्वाचि मोडली मान

हे माट्टीचे, हे जांब्याचे, हे किनळीचे रूख
हीं काजूचीं ल्हान-व्हड झाडां लागलीं शेकानशेक

ह्या झाडाचेर त्या झाडाचेर सवणीं गातात गीत
शेतां-शेतांतल्यान गोरवां चरतात, पाडकां हांबेतात

बाराय म्हैने रात-दिस हांगा फळां-फुलांचो भार
जायो, जूयो, शेंवतीं, मोगरीं, आबोलीं गोणार

केळीं, आंबे, पणस, सुपाऱ्यो, नाल्लांचि पडली रास
खिणभर हांगा रावल्यावर जाता अिंद्र-वनाचो भास

नागणीसारक्यो सुरसुर झुळझुळ खडपा-खडपांतल्यान
व्हांवतात झरी, पळोवन मनशाक अुन्ना सामकें भान

धवेफुल्ल अुदकाचे व्हांवतात हेवटेन तेवटेन व्हाळ
दुदाचे हांडे फुटले दिसतात दोंगरांच्या माथ्यार
ल्हान-व्हड न्हंयों वळणान वळणान दर्यांत घेतात धांव
सोबीत सुंदर नंदनवन हें, गोमन्तक हाजें नांव

## २

सह्याद्रीच्या मुळसांतलें हें भूशण धतरेचें
सात जल्मांची पुण्याय घेवन जल्मा हांगा येवचें
माथ्यार धल्ली धार दुदाची; सुचना देवांक कांय
पश्चिमदर्या रात-दिस धूता मोगान ताजे पांय
गोमन्तक म्हजें धर्मविरांची कर्मविरांची खाण
बुदवंतांची शिरवंतांची केन्नाच नाथें वाण
राखण्याक[1] देवपण आयलें जेन्ना लागलो हांगा पांय
गोमन्तक म्हजी सामान्याची न्हय रे! बाबा भूंय
बुद्धशिश्य अर्हत् पूर्णाची, दंतिदुर्ग-कृश्णाची[3]
कोणाक जांवचिना याद तशी त्या जिवबा केरकाराची?
लत्तलपुरकारांच्या किर्तिन भल्लो सगळो संवसार
दिल्लीचें सिंवासन हाल्लें जिवबाच्या धेंकार
त्रिखंड-किर्ती-मंडित, संस्कृत विद्येचें भांडार
अजून बागैता तकली संवसार ' रामकृश्ण[4]' म्हळचार
असल्या शिरवंतांची लागली सारकी पाथावळ
नांवां तांची घेतल्यार पूरो ओडूंक नाका माळ



व्हडल्या आवैची सांवळी पडली बुद्दिर चडलें रांप
गोंयकार आपली व्हडवीक असली विसरुन गेले साप
शणै गोंयबाबा, पेटोवन दीवो घणघणीत कोंकणीचो
अुजवाड घालो सात कोंकणांचेर उपकार[6], हो सासणाचो
काळजार दवरुन हात संवसाराक सांगन आतां हांव
रानवट न्हय रे! नंदनवन हें! गोमन्तक हाजें नांव.

1. गोरवां-राखण्या श्रीकृश्णाक. ( गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक, पैलें खंड, पा. ४-५; 'कांहीं मराठी लेख', पान २२-९९.)

2. अर्हत् पूर्ण हो चंद्रवाडयेंतल्या मुळें गांवचो आसून गोतम बुद्धाचो शिश्य आसलो. (वसणूक पान ९, १९.)

3. राष्ट्रकूट सम्राटांभितर जावन गेल्ल्या कांय राजांचीं हीं नांव आसात. राष्ट्रकूट हे मुदलचे साश्टींतले लोटलेचे; देखून ते आपणाक 'लत्तलूरपूर-वराधीश्वर' हें बिरुद लावन घेताले. (वसणूक, पा.२८-३९; 'कांहीं मराठी लेख', परिशिष्ट आ १, पान २७५-२८०.)

4. डॉ. सर रामकृश्ण गोपाळशणै भाण्डारकार.

5. व्हडली आवै = अवदिसा, भीक.

6 एका संस्कृत शिळोकांत सात कोंकणांचीं नांवां दिल्यांत तीं:– केरल, तुलिंग (तुलुंग,तुरंग), गोराष्ट्र (गौराष्ट्र), कोंकण, कराट (केरातह), वरालाट (वरलत्त, वरानाट), बर्बर. (सह्याद्रिखण्ड, MS. in the Bombay University Library, No. BC—98, copy of शक १७५० सर्वधारी संवत्सर ( क्रि. स. १८२८ ), उत्तररहस्य, अ. ८६.)

## मागणें

ती पालोवं नाका जोत, तुका जोडले दोनूय हात !

चोंयवशीन काळोक-गुपाट
सगले जाण चुकले वाट
दाखैलो मार्ग नीट, दिवो पेटोवन घणघणीत.

रात-किडिंचो किरकिराट
घुगमांचो घुरघुराट
वालतात कुले भालू रानांत, मुणीं हीं दारांत.

कुपांचेर कुपां येवन
अुडैलो चंद्रिम धांकून
झाडांचि पानां सळसळून, वाऱ्यान भिवैतात.

आयले खैंसून?—पावले खंय?—
रेव्यांत रोंवून बसले पांय !
पळोवन किर्ण आयलो धीर, निर्शेल्या मनांत.

तन, मन आनी धन
लेखुन कुस्कुटासमान
वाण्याक लावन आपलि मान, दवल्ली पेटत—
ती पालोवं नाका जोत !

❁



## निर्धार

'विचार करून धर । हो मार्ग कणखर

चोंय कुशीन रान
काळोख भीणभीण
ना सांगाति कोण
विचार करून धर । हो मार्ग कणखर

लाखांत अेक वीर
ताचोय खचलो धीर
पळोवन फुडले चर
विचार करून धर । हो मार्ग कणखर

आपलें जातलें ना—शें
लोकांत जातलें हांशें
म्हणटले लागलें पीशें
विचार करून धर । हो मार्ग कणखर.'

०००

'गेलि नदर, मेलें मन
हे फुटले भायले कान
नेणा म्हजो हांव कोण
आतां बदलना विचार । जालि नदर आरपार

पर्वत तो धिराचो
समुद्र साहसाचो
रे! प्राण तो आशेचो
काडलो भाग्य-सूर्य वैर । केलो अुजळ ताणें फुडार

कोंकणीक जीव–दान
दिवपाक पंचप्राण
हे अुडैन अुंवाळून
आनि फुलैन फुलार । मळो तापल्ल्या सडचार

येस वा अपेस मुखार
जोखात बसून सोप्यार
पर्थना सुटलें बार
कोण करुंत कावकाव । निश्चिंत बयाभाव.'



## संव्हार!

वचुं तुटून बोंबलेचो देंट । मार बोब
आयकून भयान वागिण–शिविण सोडुंत आपले गाब!

पडुनी पीळ आंतकटयांक, ताळो सरांटून
वचूं, फुटूं काळिज, दिशो सोड दणाणून!

घडघडून पडुं मळब, वीज कडकडून
पडुन भेगांर भेग धर्तरी वचूं फुटून!

अुसळुनी नेटान वैर अुदक समुद्राचें
वचुं तळाक फुटून तारुं नोये प्रजापतीचें[1]!

घाल अुजो, पेटै होळि, पळोवं नाका वळून
विचार कसलो? वचुनि सगळि घाण ही जळून!

वा अुडै कसून भूंय. हाड असो नांगर–
लागुन जगल मरुनि शेश! कोसळुनी दोंगर!

पिळुन काळिज, शिंपुन रगत धुवन काडूं भूंय
फुकून आत्मे तेजवंत वसोवं नवें गोंय!

मारुंत मारतले हुयेल, माथ्यार घेवन हात
नाका चिंता! मरुंत तडफडून अबगंत!

जलम घेवन फुकट! कूस दुखैली आवैची
वाऱ्यार घाली भास, भूंय. अवलाद ही अपेशी[2]

कोंकणी भाषा मंडळ गोंय

दीस–रात खावन खोंटो, करित लेंग–लेंग
काट्टात दीस पिवन पेज, पांयांक मारुन वेंग

अुडैलो विकून न्याय, नीत, अभीमान
मारतात बोब धर्म–संस्कृतायेच्या नांवान !

अर्थ अुल्लो अक्षरांत, अनर्थ वेव्हारांत
गळुन गेलो रोस, सोप घेवन झगट्टात !

वर्सां गेलीं शेकड्यांनी पडुन खातोणांत[3]
ना पर्वा ! – पणुन खंत ना कशी मनांत ?

गेले जे विसरून पूर्व[4], तांकां ना फुडार
व्यर्थ जीण, आवैक शीण, धर्तरेक भार !

जिवंत हीं मडीं. कित्याक वंश असलो जाय ?
अुखल कुराड, काड प्राण, घालुन अेक घाय !

1. **नोये प्रजापतिचें तारूं** :– देवान संवसार घडून, तांतूंत मनशां जल्मा घालीं आनी तांणी न्याय–नितीन चलून आपणासरीं सर्गार येवची मांडणी केली. पणून हें तीं विसल्लीं आनी नश्टचो करण्यो करून पातकांत बुडूंक लागलीं. देवाक तांचो राग आयलो. ताणें तांकां मारचें येवजिलें. त्या वेळार, न्याय वळखतलो आनी अुजू मार्गान चलतलो नोये प्रजापती नांवाचो अेकलोच मनीस आसलो. हाका देवान वाटावचे थारावन, ताका अेक तारूं बांदूंक लायलें आनी दर अेका जिवाचें जोडें घेवन ताचेर चडूंक सांगलें. अुप्रांत देवान आकांताची बुट्टी हाडून सगळो संवसार बुडोवन अुडैलो. (गोमन्तोपनिषत्, खंड २, पा. १५,)
2. **अवलाद** (अरबी, = संतत. 3. खातोण = नर्क. 4. पूर्व = पुर्विल्लो आदलो (अितिहास).





वाट पळैतां, दुकां गळैतां, दोळे गेले सुजून !

आतां येत, मागीर येत
म्हणुन बसुन काडलि रात
दिवलेंतली पांचवि वात––गेली पळै जळून !

नशिब म्हजें अुकतें जालें
खोसयेन कितलें भुरकूटलें––
जेन्ना तुवें अुतर दिलें––आज येतां म्हणून !

फांत्या–पारा वेगिन अुठुन
मोगरेचे कळे खुटुन
सोबित हार काडलो गुथुन––गेलो पळै सुकून !

वाऱ्यान दिसता, वाजलें दार
म्हणुन गेलें घेवन हार
पारव्यांचें जोडें मुखार––जीव गेलो सुकून !

लुतफुततात सगळि जाणां
न्हय–तीं मारतात फकाणां
कानांर केंस काडले, रानांत–– बशिल्ल्या भाशेन!

अबें राबुन दरवटचार
जीव सामको जालो फुगार
दवान तण, दुकांनि पदर— गेलो पळै भिजून !

सोंपलि रात झिळमिळ्ळें
पूर्वेवसल्यान तांबडें जालें
पळोवंक तुजे पांय आशेलें—हांव दोळे भरून !

आतां धीर धरूं नजो
अेक ध्यास्त लागलो तुजो
सांबाळ ! तोल सुटलो म्हजो—धर आतां जिखून !



## 'नवें गोंय—नवे गोंयकार !'

तुमी करात जयजयकार—'नवें गोंय नवे गोंयकार !'
ते मेंगे आनी आळशी
मतसरी आनी दुस्वासी
पेजेन निखटे धादोशी—
रावचे नात ह्या मुखार—'नवें गोंय—नवे गोंयकार !'

ते फाटले दीस गेले! —
आयकून वोगी रावचेले
हे नवे सुर्य अूदेले—
आतां दितले पर्थो मार! —'नवें गोंय—नवे गोंयकार !'

तो राष्ट्रकुटांचो देस
वीर्यवंत कोंकणी भास
जावंचि नात कोणाचीं दास—
जरी दिलीं सुळा—गोळार—'नवें गोंय—नवे गोंयकार !'

तरसादी आनी भाले
तुबकां[1]-नाळींचे गूळे
ते कित्याक अुपकारतले ?
हे जाले कुडीर अुदार—'नवें गोंय—नवे गोंयकार !'

जरि तुटली तांची मान
खंववेर कुडित हे प्राण
घेवचे नात अेक फाटल्यान—
जें घालें पावल मुखार— 'नवें गोंय–नवे गोंयकार!'

मळबांत वीज कडकडली
धर्तरी सकल गडगडली
धीराची अेकच पुतळी—
पळोवन भितलो संवसार— 'नवें गोंय-नवे गोंयकार!'

1. तुबक= आर्म (पुर्तुगेज) बंदूक (तुर्क).



## सार्थक

शिटुक बुद्दीचो, लांब विचारांचो,
घट्ट काळजाचो, अूंच हावेसाचो.
बुद्द, बळगें खर्चून, लावन जीण—
अजस्त्रांचो ताणें तयार केलो बाण.

जाली तांडी[1] पळोवंक ही ! लोकाची
रांग लागली, जशि कांय ती मुयांची.
लोक व्हडले ! वळखता तांकां कोण ?
बोटां घालीं तोंडांत अजापान.

मागिर अुठलो तो घेवन चंद्रजोत,
लावन सोडलो ताणें बाण अंत्राळांत
नवल तेन्ना आयकात, अजापांचें—
वोत पडलें जमनीर विचित्रांचें !

वैर गेलो अुजवाड–लोळ खर
सर्ग दिसलो मनशांक धर्तरेर !
न्हय अजाप, दिपकवलि जिवावळ
वाट चुकली आपली गिरावळ !

ताळयो तेन्ना खोसयेन कोणें चार—
दिवन, घाले हाडून गळयांत हार
कोणें जोडले ताका हात भावार्तान
'पिसो !—' बडबडले कोण मत्सरान.

गोड हांसलो, पळोवन चोंयवशीन
मान बागैली तशी नम्रतेन
जड जालें मन, हुंगित फुलां-हार—
घरा गेलो, अूदास बाणकार !

1. तांडी=जमो, दाटी, गर्दी.



# जागर

कर तूं जागर—जीव आसा सर !

मेजुन अेक अेक खीण
गळोवन दुकां, गिळुन शीण
अुमथी मान घालुन जीण—काडली आजवेर !

दिवन जल्म भागली कूस
दुखले दोळे, फुकुन तूस
राखले प्राण घालुन नीस—अैन ह्या वेळार !
घेवन आजवेर ध्यास
जल्मभर काडले त्रास
रिगैली मनांत आस—तूंच अेक धीर !

न्हय न्हिद मर्ण-काळ
राबूं नाका आतां घाळ[1]
चुकै पाड वेळ हीच—घात नाजाल्यार !

फुटूं चाम, बडै धोल
पडूं कूड सुटुन तोल
जावूं जागे राबूं अुबे-वीर तुजे जाग्यार !

1. घाळ=न्हिदिल्लो. बेसावद.

## शिल्पीक कामतींक–

जालो धादोस जीव, तुजी आयकून व्हड किर्त
आनि आशेलो पळोवंक तुजी ल्हान गोड म्हुर्त.

वचुन पैस जाले दीस, गेले म्हैने, वर्स—
मागलें कितलें येवचें म्हणुन जोडुन पूर्ण येस.

मेकळें मन, हांसतें तोंड, नदर हावेसाची
पळोवन तान-भूक न्हिवलि आज ह्या दोळ्यांची

भाग्यवंत आवै तुजी वीरवर पुतांक—
जल्म-दिणी म्हणुन गाजता नांव दिगंताक.

दिवन जल्म, जाली धन्य, लावंक तुका तीट
मांडून पाट, घेवन राट, पळेता तुजी वाट.

मेळुं अुपाट लांब जीण––जावं ती सुखाची
अूंच अंत्राळांत अुत्रूं घुडि तुज्या येशाची

मेळै जैत आडमेळयांर हाणुन अशे पांय
घडोवन म्हुर्त काड अूंच कोंकणि संस्कृताय.



## मांडो

चल-चलतां जाली रात
दोळे म्हजे झेमेतात
कोण जाणा ?–– चुकलें वाट
आयलें सोडून मार्ग नीट!

०००

चोंयवशीन दाट रान
तांतूंत काळोख भीण-भीग
घोलतात झाडां सुटुन वाव
गोमटेंत आयलो म्हजो जीव
सर सर जाता पालो
आनि काळजांत मारता भालो
ना कोणाची हांगा जाग
कसो काडूं तुजो माग ?

०००

नदरेक नदर लागली जेन्ना
अेक जालीं अंतस्कर्णीं
दिलें अुत्तर घेतलो भार
आयलें सोडून घर-दार

तुजे फाटल्यान जीव पिसो
गेलो अबून कापुस-कसो
आतां अुल्ली जड कूड
तिकाय लागली तुजी ओड

०००

लोणयापरस मोव मन
कट्टा चांदन्याच्या धगान
ताचेर कितले घेतले घाय
पणून म्हळें ना रे! 'हाय!'
मर्णा भिना पडूं कूड
पणून जोडूं तुजी जोड!



## थंडाय !

अुजवाडाचो रथ
समुद्र–धारेंत
पर्वताचें तोंक लिपलें दाट काळोखांत !

दुर्भाग्यांनो! रीत--
तुमची विपरीत
गेलीं सुकून फुलां, आतां शेंकारे वेंचात !

चंद्र कूपांआड
हुमटुन पडलो माड
भारान न्हिदलो वड, धोलता ताळखिळयाचें 'झाड'!

जाच्या रे! भयान--
हतयान सोडलें रान
आतां कोले घालतात कूले, हाडलो कणकण !

न्हिदलो तो गरूड
आतां सोडून धोल--
नातकांतो[1] !ही रात तुमची, करा बडबड !

नाद खण खण—
लिपलो, सोंपलें रण,
आतां जालें मेकळें—येयात शूरांनो! —रंगण!

अुल्नें ना रे भय—
सोंपेपणीं जय!
सासणांचीं सासणां[2] आतां थंडाय थंडाय ! !

१ नातूक=घुगऱ्यांची एक पौटजात.
२ सासणांचीं सासणां=युगांचीं युगां.



## सड्यावेलें फूल

ल्हान-व्हड भोंवतणी पातळ्ळे गांव पैस चड
मदींच तांच्या दोंगरार आसलो अेक सडो व्हड

झाड-पेड ना, दगड-गुंड्यांनी भरून तो गेलो
कित्याक पावतलो मनिस, दिसाचो भोंवतालो कोलो

कुलकुलाट थें सदां कोल्यांचो, भालूंची रड
घुघुम-गिदांची वरड सदांची, जें थें हाड

पुरस-खोल फोंडांची गर्दी, चर लांब लांब
परंत आशाडांतूय थारना अुदकाचो थेंब

थंडगार अुदकाचे लागले मुळसांतल्यान पाट
पणून सड्याच्या माथ्यार वोताचो सदां रखरखाट

सुंदरतेची खण भोंवतणी मदीं सडो पाड
बोटभर मेळचेंना तण थें खंचें फूल-झाड ?

०००

कितलीं गेलीं वर्सां नकळ, खंत करता मन—
आनी सड्याचें मागता सारकें फुल-झाडां-धन

करून आंगोवण्यो आनी जगोवण्यो आजवेर भागलो
निर्शेणेचो बाण सड्याच्या मना खोल लागलो

भोंवतणचे पळोवन निजाचे[२] रंग विचित्रांचे
खेळ रुतूंचे, थवे फुलांचे, मेळे सुकण्यांचे

केन्नाय तांचे कानांर येवचे सूर नाजुक गोड
मनान घेवची ओड, सड्याची पडलि कूड जड

अखेर फळ्ळें तप, निजाचें तशें मन वळ्ळें–
आनी वाऱ्यान बीं वालीचें अेक येवन पडलें

काडुन शेंकारे पैस–गुंडे ते, मोव भुसभुशीत–
करून जागो ल्हवूच पुल्लें बीं ते मातयेंत

जिल्लें-शें तें बीं वालीचें, कुस्कुट ना जावचें
पणून सड्याचें नदरेन ताचें मोल धर्तरेचें.

०००

अशेंच गेले दीस कांय, बीयेक कोंब आयलो
आनी आशेन मुखार सड्याच्या सर्ग उबो केलो

दोनूच पानां पळोवन पांचवीं खोस जिवा जाली
अितल्यांत आयली धवीफुल्ल नाजूक अशी कळी



हाल्लो-धोल्लो कितलो तेन्ना जावन सगंधन
खोसयेच्या दर्यांत सड्याचें पेवंक लागलें मन

सायबा-जात्रा करून कुपांची सावळि तिका करची
कण दवाचे दिवन रातीचे ताजपाण हाडची

आनीक करतलो कितें ?––अभागी जीव संवसारांत–
दिवन पिठाचें अुदक दुदाची तान भागैतात.

०००

कुचकुचीत पानांचे पांचवे बसून तेंगशेर
हालचें धोलचें, हांसचें रडचें, न्हिदचें खेळतेर

वाऱ्यान येवचें, ल्हवू हालोवचें पाळणें पानांचें
गुंङ गुंङ गुंङ भोंवरांनी आपलें गोड गीत गांवचे

अूंच झाडांनीं आनी झोपांनीं बसून सुकण्यांनी
तरेतरेच्यो सांगच्यो काणयों गायतेर व्होवयांनी

असले तरेचें भाग्य फुलांचे परंत नशिबान—
सड्यार आयलो जल्म करतलो थैं कितें कोण ?

केन्नाय कानांर अेक आयलें ना अुतर, सूर गोड
थैं मोगाच्यो काणयों खैंच्यो ? दीस-रात रड

धुकलतात जें दीस जिणेचे खावन पजड घाण
थें कळयेच्या नाजुक रूपा सांग भुलत कोण ?

मेळैतात सांगात पातकी राखून पोटां घात
थें मोगाचें पवित्र निर्मळ स्पुरत कशें गीत ?

मोग जें ना, त्याग खैंचो थें ? खैंचें समाधान ?
सुवार्थांत हावेस जल्मलो थें सगळि घाण !

०००

दोंगराचे कडेक बियेची चंद्राची कोर
तशी सुपुल्ली कळी सडयाचे सोबली माथ्यार

अेकलि अेकसुरी, ना सांगाती कोण तिका मेळ्ळो
घुगुम–गिदांचीं पळोवन भीरीं जीव तिचो गळ्ळो

गूण निजाचो, जल्म फुलाचो म्हणु दोन पाकळयो
कशोय तरी कळयेच्यो जाल्यो अेक दीस मेकळयो

फुलप कसलें ?–तव्यार तापिल्ल्या फुटून जशी ल्हाय
खिणांत करपुंची तशी फुलाची जाली आवतिकाय

दिसूयभर तापून वोताच्या धागान तें वावलें
अुडोवन आडवी मान कटकटा ! सासणाचें न्हिदलें.

1. सडो=बसाड जागो, 2. नीज=निसर्ग.



## नाका नांव !—

नाका नांव, लौकीक, मान कांय
सदां अुरुनी ध्यानांत तुजे पांय.
गोड तंद्रीचो करूं नाका भंग.
सदां अुरुनी सेवेत चित्त दंग.

तुजी सेवा ! –जीवाक ह्या विसव
तुजे सेवेबगर वचत जीव.
काडिन वर्सां खोसयेन पिवन नीस
मेळू सेवा करूंक रात-दीस.

पोट रीतें भरूंक वेतभर
जरी केली तोंडान घरघर
जीव जागो हो मनांतले मनांत
तुजे किर्तीचें गीत गुणगुणत.

बऱ्या-वायटाचो ना मनाक शीण
कूड पडूं ही वचूं कशेय प्राण
अेक मागणी ही नम्र भौनभौन
वचूं तूजे किर्तीन भरून जीण.

केन्ना गला जर नदर हे कुशीक
मान्य जाली ही सेवा, कर अेक—
म्हण 'आपलो' आनि ओड फाटिर हात
मागिर मारिन हांव सर्ग-सुखा लाथ.

दुसरें छापप : ऑगस्ट १९८९

© कोंकणी भाशा मंडळ

○ उजवाडावपी :

अभयकुमार वेलींगकार
सरचिटणीस
कोंकणी भाशा मंडळ
४९/बी, एराज्मु काव्हाल्यू मार्ग
मडगांव–गोंय

○ छापपी :

रवि मुद्रणालय
बेळगांव

○ **मोल : धा रुपया**